# प्रादेशिक खबरो

29.09.2025 @ ७.20 pm

- आपणाक फकत कायमस्वरूपी नोकरी जाय ही मानसिकता गोंयच्या तरणाट्यांनी बदलपाची गरज आसा अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला
- जागतिक पशुवैजकीय सेवा, फोंडा महानगरपालिका परिषद आनी फोंडा रोटरी क्लब यांच्या जोडपालवान, जागतिक रेबीज दिसा निमित्त "रेबीज मुक्त गोवा" ह्या शिबिराची सुरवात आज फोंडा राजीव गांधी कला मंदिरात जा ली.
- प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या कार्यकाळात जाल्या उदरगतीच्या कार्याचो आयकात खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट
- गोवा राज्य पावडया वेल्या बुद्धिबळ सरतीत 15 वर्सा सकयल्या उक्त्या गटात जोशुवा टेलिश हाणे जाल्यार चलयाच्या गटात वैष्णवी परब हाणी विजेतेपद पटकायले

आपणाक फकत कायमस्वरूपी नोकरी जाय ही मानसिकता गोंयच्या तरणाट्यांनी बदलपाची गरज आसा अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला. उद्देगांखातीर लागपी मनीसबळ तयार करपाखातीर सरकार काम करता.उद्देजकांनी तांका तशा पद्धतीचे मनीसबळ प्रशिक्षण दीवन कामगार तयार करू येता.ते सरकाराक कळीत करचे.गरज पडल्यार 3 म्हयन्याचो Short term course हे नदरेतल्यान सुरू करू येता अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार येवजणेचो लाव घेंवन उद्देजकांनी चडान चड रोजगाराच्यो संद्यो तयार करच्यो अशेय आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला.

ह्यावेळार उलयतना कामगार खात्याचे मंत्री बाबुश मोन्सेरात हांणी सांगले की गोंयात प्रधानमंत्री विश्वकर्मा येवजण, तशेच हेर येवजण कामगार खात्यान चालीक लायल्यात.कामगारांक बरी सुविधा दीवन एक प्रशीक्षित मनीसबळ तयार करपाच्या नदरेतल्यान सरकार काम करता अशी म्हायती तांणी दील्या.

पणजे कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या बहुउद्देशीय सभाघरातल्या ह्या कार्यावळीत GCCI ची अध्यक्ष प्रतीमा धोंड,कामगार खात्याचे सचीव आश्वीन चंद्रु, कामगार आयुक्त राजेश आजगांवकार, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशाल्ले. ह्या कार्यावळीत वेगवगळ्या कंपनीचे HR, कामगार संघटनाचे वांगडी,तशंच उद्देजक मळावेले मानेस्त हाजीर आशील्ले.गोंय कामगार आयुक्त कार्यालय आनी Employees’ Provident Fund Organisation (EPFO), Regional Office

Goa हांच्या जोडपालवान सेवा पखवाडाच्या फांटभुयेर प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार येवजणेच्या जागृताय कार्यावळीवेळार हे मानेस्त उलयताले.

समाज कल्याण संचालनालया वतीन 1 ऑक्टोबर क  राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडा हांगा "आंतरराष्ट्रीय ज्येश्ठ नागरिक दीस" मनयतले सकाळीं 10.30 वराचेर कार्यक्रमाक सुरवात जातली. ह्या कार्यक्रमात 70 वर्सां पिराये वयल्या 14 उत्कृश्ट ज्येश्ठ नागरिकांचो शाल, श्रीफळ, प्रशस्तीपत्र, यादस्तिक आनी रोख 5 हजार रूपया भेटोवन सत्कार करतले. कार्यक्रमाक शेती मंत्री रवी एस. नाईक, समाज कल्याण मंत्री. सुभाष फळदेसाय, समाज कल्याण सचीव सरप्रित सिंग गील आनी संचालक दीपक एस. देसाय उपस्थित आसतले.

समुद्रयान प्रकल्पा वरवि खोल महा सागरातलो शोध घेवपाक DEEPओशन मिशन प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीच्या कार्यकाळात जाल्याविशिचो हो आसा खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट byte समुद्रयान

जागतिक पशुवैजकीय सेवा, फोंडा  महानगरपालिका परिषद आनी फोंडा रोटरी क्लब यांच्या जोडपालवान, जागतिक रेबीज दिसा  निमित्त "रेबीज मुक्त गोवा" ह्या शिबिराची सुरवात आज फोंडा राजीव गांधी कला मंदिरात जाली. या शिबिरांत पाळीव आनी हेडग्या दोन्ही कुत्र्यांक रॅबिज प्रतिबंधक लस दिवपाक आनी तांची नसबंदी करपाक व्यवस्था केल्या.

कार्यक्रमाक शेती मंत्री रवी नाईक, नुसते व्यवसाय, पशुसंवर्धन आनी पशुवैद्यकीय सेवा मंत्री नीलकंठ हळणकर, फोंडा नगरपालिकेचे अध्यक्ष आनंद नाईक, मुख्य अधिकारी सुयश खांडेपारकर, मिशन रॅबिजचे डॉ. मुरुगन अप्पुपिलाई, डॉ. स्टेसी सिक्वेरा, सचिव प्रसन्ना आचार्य, गोवा ॲनिमल फेडरेशन अध्यक्ष के.डी. राव, रोटरी क्लब ऑफ फोंडा  न्यू जनरेशन अध्यक्ष लुईस गोम्स आनी हेर मानेस्त उपस्थित आसले.

रेबीज प्रतिबंध आनी नियंत्रणावेर जनजागृती करपाक रेबीज दिस दरवरसा २८ सप्टेंबराक मनयतात. गोयात  २०१४ पासून मिशन रेबीज आनी वर्ल्डवाइड व्हेटर्नरी सर्व्हिसच्या सहकार्यान ह्या मोहिमेत आघाडी घेतल्या आनी भारतातलें पयले रेबीज नियंत्रित राज्य थारला. हो यशस्वी प्रकल्प आंतरराष्ट्रीय पातळीवर "द गोवा मॉडेल" म्हण नावारूपाक  आयला.

शिबिर आज सुरू जाले, जे २९ सप्टेंबर ते ३१ ऑक्टोबर मेरेन आसतले. कमीत कमी १,००० कुत्र्यांचे निर्जंबीजीकरण करपाची मोख आसा. ह्या शिबिरात मोफत लसीकरण आनी नसबंदी सुविधा दिता.
तसेंच, मिशन रेबीज आनी रोटरी क्लब ऑफ पोंडा न्यू जनरेशन यांच्या जोड पालवान रेबीज रनथॉन २ ऑक्टोबर क  आयोजित केला. हा कार्यक्रम राजीव गांधी

कला मंदिरातल्यान सकाळी ६ वाजता सुरू जावन , हातुत - ज्येष्ठ नागरिक, दिव्यांग, युवक आनी लहान भुर्गी रेबीज आड जनजागृती करपाक सहभागी जातली

भारतीय रेल्वे कन्याकुमारी ते काश्मीर मेरेन भारताक जोडता. ह्या रेल्वेच्या विस्तारलेल्या जाळ्याविशी फाटल्या अकरा वर्सात जालो विकास आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदिचो दृशिकोनावीशी हो आसा खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट byte रेफोर्म रेल

गोवा राज्य पावडया वेल्या बुद्धिबळ सरतीत 15 वर्सा सकयल्या उक्त्या गटात जोशुवा टेलिश हाणे जाल्यार चलयाच्या गटात वैष्णवी परब हाणी विजेतेपद पटकायले

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान २६.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.